# विठ्ठलापूर-सांखळे 15 नोव्हेंबराक त्रिपुरारी पुनवेचो उत्सव

ता. 13 नोव्हेंबर 2024

कला आनी संस्कृती संचालनालय, पर्यटन खाते, पर्यटन विकास म्हामंडळ, म्हायती आनी प्रसिध्दी खाते, दिपावली उत्सव समिती आनी श्री विठ्ठल देवस्थान समिती हांच्या सहकार्यान 15 नोव्हेंबर 2024 दिसा विठ्ठलापूर सांखळी हांगा त्रिपुरारी पुनव उत्सव मनोवपात येतलो.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, आदले मुख्यमंत्री आनी श्री विठ्ठल पंचायतन देवस्थानचे अध्यक्ष श्री. प्रतापसिंह रावजी राणे, पर्यटनमंत्री श्री. रोहन खंवटे, आमदार आनी पर्यटन विकास म्हामंडळाचे अध्यक्ष डॉ. गणेश गांवकार, गोंय राज्य बागायत म्हामंडळाचे अध्यक्ष श्री. प्रेमेंद्र शेट, गोंय राना विकास म्हामंडळाच्यो अध्यक्ष डॉ. देविया राणे, कारापूर सर्वण पंचायतीच्यो सरपंच श्रीमती सिध्दी परब, दिपावली उत्सव समितिच्यो अध्यक्ष श्रीमती तन्वी सावंत, श्री. दिनेश उसपकर आनी हेर मानेस्त ह्या वेळार उपस्थित रावतले.

त्रिपुरारी पुनवेच्या उत्सवानिमतान विंगड विंगड कार्यक्रमांचे आयोजन करपात येतले. म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्या वतीन स्वयंपूर्ण गोंय विशयाचेर फोटा प्रदर्शन आयोजीत करपात येतले. सांजेच्या 7.00 वरांचेर भगवान श्रीकृष्ण मिरवणूक, उपरांत वाळवंटी न्हंयच्या पात्रात दीपदानाचो कार्यक्रम जातलो. 7.30 वरांचेर श्री पांडुरंग देवस्थानच्या प्रांगणात सांस्कृतिक कार्यक्रम, रातच्या 10.30 वरांचेर श्री विठ्ठल-रखुमाईची पालखी मिरवणूक आनी उपरांत पारंपरीक सारंग दिवे मळबात सोडपाचो कार्यक्रम जातलो. पारंपरीक नौकाविहार सर्त रातच्या 10.30 ते 12.00 वरां मेरेन जातली. वाळवंटी न्हंयच्या पात्रात जावपी नौकाविहार सर्त ही उत्सवाचे खाशेले आकर्शण आसा आनी गोंयासयत शेजारच्या राज्यांतल्यान हजारांनी भाविक ही सर्त पळोवपाक येतात. नौकाविहार सर्तीत पर्यावरणपूरक नौकांचो सहभाग आसता

नौकाविहार सर्तीखातीर पयले इनाम 35 हजार रूपया आनी रोलिंग ट्रॉफी, दुसरे इनाम 30 हजार रूपया आनी रोलिंग ट्रॉफी, तिसरे इनाम 25 हजार रूपया आनी रोलिंग ट्रॉफी, चौथ्ये इनाम 20 हजार रूपया आनी प्रशस्तीपत्र, पाचवे इनाम 15 हजार रूपया आनी प्रशस्तीपत्र तशेंच प्रत्येकी 8 हजारांची पाच उमेद वाडोवपी इनामां दितले. तशेंच 10 निवडक बोटीक प्रत्येकी 5 हजारांचे मानधन आनी उरिल्ल्या सगळ्यां सहभागी पंगडांक प्रत्येकी 4 हजार रूपया दितले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/638

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.